# आयतारा सुर्ला हांगा कृशी मेळाव्याचे आयोजन

ता. 27 फेब्रुवारी 2026

गोंय सरकाराच्या कृशी संचालनालयान आयतार 1 मार्च 2026 दिसा नारायणदेव देवस्थान, सुर्ला हांगा कृशी मेळावो आनी शेतकार गौरव सुवाळो आयोजीत केला. सकाळी 10.00 वराचेर सुरू जावपी कृशी मेळाव्याच्या कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले. ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं सामुदायिक शेती प्रकल्पांचे उक्तावण जातले तशेंच शेतकारांक पुरस्कार भेटयतले.

ह्या मेळाव्यात मुख्यमंत्री श्री नारायण देव शेतकरी संघटना, सुर्ला, माऊली शेतकरी संघटना, मेणकुरे, कांतोर खाजन शेतकरी संघटना, आमोणा आनी कोले खाजन शेतकरी संघटना, कुडणे ह्या शेतकरी संघटनांच्या शेती लागवड प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले.

कृशी संचालनालयाचे संचालक संदीप फळदेसाय आनी विभागीय कृशी अधिकारी यशवंत गावस शेतकारांक संचालनालयावतीन शेतकारांच्या फायद्याखातीर अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणांची म्हायती दितले आनी शेत लागवडीविशीं मार्गदर्शन करतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/147

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.